# मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं 108 दुचाकी एम्बूलन्स सेवेचो शुभारंभ

ता. 8 फेब्रूवारी 2018

19 माघ 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज पर्वरी सचिवालय प्रकल्पात आयोजित कार्यक्रमात भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांचे उपस्थितीत 108 दुचाकी एम्बूलन्स सेवेच्या नव्या 20 वाहनांचो शुभारंभ केलो. दुचाकी एम्बूलन्स सेवेक लागून येरादारीची गर्दी, अरूंद रस्ते आनी हेर अडचणीतल्यान मार्ग काडून अपघात वा हेर जाग्यांचेर पावपाक आनी दुयेंती वा अपघाताक सापडलेल्या व्यक्तीक ताबडतोब प्रथमोपचार दिवपाक मदत जातली अशें मुख्यमंत्र्यान हयावेळार सांगले.

दुचाकी एम्बूलन्स वाहनांचेर दुयेंतीक वा अपघातात सापडिल्ल्या व्यक्तीचेर प्रथमोपचार करपाखातीर ऑक्सिजन सिलिंडर, इंजेक्शन आनी हेर प्रथमोपचार सुविधा आसात, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी सांगले, दुयेंती वा अपघातात सापडिल्ल्या व्यक्तीचेर ताबडतोब प्रथमोपचार करून जीण वाचोवपाक मदत जातली. दर्यात बुडपी व्यक्तीक तत्काळ प्रथमोपचार दिवपाक हे सेवेची मदत जातली. मनशाची जीण साल्वार करप हो हया सेवेचो उद्देश आसा. दुचाकी एम्बूलन्स वाहनांचो आकडो शंभरमेरेन वाडोवपाचो सरकारचो यत्न आसतलो, अशेंय तांणी सांगले. भलायकी मंत्र्यान हया वेळार अतिरिक्त 25 रूग्णवाहिका पुरस्कृत केल्लेखातीर खाजगी कंपनीचे उपकार मानले.

हया वेळार भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, दुचाकी एम्बूलन्स सेवा ऑपरेशन प्रमुख श्रीमती पूर्ती पाटकर आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

दुचाकी एम्बूलन्स अपघाताविशी फोन कॉल मेळ्ळयाबरोबर धा मिनटाभितर अपघातात सापडिल्ल्या व्यक्तीमेरेन पावतली आनी प्रथमोपचार करतले आनी तो मेरेन दुयेंती वा अपघातग्रस्त व्यक्तीक हॉस्पिटलात व्हरपाक सगळया सुविधांनी सुसज्ज आशिल्ली रूग्णववाहिका अपघात थळार पावतली.